**<u>नितळसाणीचे काम करपी कामगारांच्या भुरग्यांक प्री-मॅट्रीक शिश्यवृत्ती</u>**

ता. 13 सप्टेंबर 2022

केंद्रीय सामाजीक न्याय आनी सशक्तिकरण मंत्रालयावतीन नितळसाणीचे आनी भलायकेक धोक्याचे आशिल्ले काम करपी कामगारांच्या भुरग्यांक प्री-मॅट्रीक शिश्यवृत्ती दितात. सरकारी, मान्यताप्राप्त खाजगी शाळा आनी मान्यताप्राप्त संस्थांनी पयली ते धावीच्या वर्गात शिकपी भुरग्यांक ही शिश्यवृत्ती दितात.

पयली ते धावी मेरेन डे-स्कॉलरांक 10 म्हायन्यांखातीर प्रत्येक म्हयन्यात रू. 225/- आनी वर्साक रू. 750/- एडहॉक ग्रॅण्ट जाल्यार तिसरी ते धावी मेरेनच्या हॉस्टेलर्सांक 10 म्हयन्यांखातीर म्हयन्याक रू. 700/- आनी वर्साक रू. 1000/- एडहॉक ग्रॅण्ट दितात.

विहित नमुन्यातले अर्ज आनी चड म्हायती खातीर समाज कल्याण संचालनालय, 18 जून मार्ग, पणजी हांगा संपर्क करचो. विद्यार्थ्यांनी आपले अर्ज संस्थेच्या मुखेल्यामार्फत ता. 31 ऑक्टोबर 2022 मेरेन सुपूर्द करपाक जाय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/531

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji